**Aakashvani Panaji National news 8.40 am 5th October 2025**

PM

कुशळटाय आनी नवनिर्माणाचेर खर लक्ष दिवन  फुडारपण करपा खातीर एनडीए सरकार युवा शक्तीची तयारी करता अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां. शिक्षण, कुशळता आणि उद्योजकतेक चालना दिवपाक प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदीनी ६२ हजार कोटी रुपयांपरस चड किमतीच्या  वेगवेगळ्या युवा-केंद्रित योजनांचे अनावरण केले. प्रधान मंत्रयानी अपग्रेडेड आयटीआय वरवी प्रधानमंत्री कौशल्य आणि रोजगारक्षमता परिवर्तन - पीएम - सेतुची सुरुवात केली

-----------------------------------------

SETU

वेगवेगळ्या युवा-केंद्रित उपक्रमांचो शुभारंभ केल्या उपरांत उपस्थितांकडे उलयताना प्रधानमंत्र्यान म्हणले की, राष्ट्र उभारणीत आपले सरकार कुशळताय आणि नवोनमेषार भर दिवन भविष्याचे फुडारपण करपाक युवा शक्ती तयार करता.हे वेळार मोदींनी बिहारच्या सुधारित मुख्यमंत्री निश्चित स्वयंम सहाय्यता भत्ता योजनेचा शुभारंभय केलो.

-----------------------------------------

AMIT SHAH

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह हाणी काल ताळगावा डॉ.श्यामा प्रसाद मुखर्जी इंडोर स्टेडियमांत जाल्ल्या कार्यावळींत राज्य सरकाराची मुखेल कल्याणकारी कार्यावळ 'म्हजे घर' येवजणेची सुरवात केली. सरकारी आनी कोमुनीदाद जमनीचेर बांदिल्लीं घरां नियमित करपाचो आनी थंय दीर्घकाळ रावपी लोकांक मालकी हक्क दिवप हो हे येवजणेचो हेत आसा. तशेंच तांणी काल 2,452 कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या प्रकल्पांचें उक्तावण केलें. ह्या वेळार मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत, केंद्रीय राज्यमंत्री श्रीपाद नायक आनी महसूल मंत्री अतनासिओ मोन्सेराते आनी हेर मानेस्त हाजिरे आशिल्ले.

केंद्रीय घरमंत्री अमित शाह हाणी सशक्तीकार्नाचेर भर दितना byte

म्हजे घर येव्जाने वरवी मालकी हक्क बद्दल संगतना byte

म्हजे घर येव्जाने ही संवेदनशील सरकारचे खाशेलेपण आसून सुधारणा खातीर चालना दिता अशे मंत्री अमित शह हाणी सांगले byte

-----------------------------------------

Makhana

संवसारीक अन्न म्हणून मान्यताय मेळिल्ल्या बिहाराच्या मखानाची निर्यात अमेरिके, कॅनडा आनी अरब राश्ट्रां भायर युरोप आनी हेर आशियाई देशांनी करतले अशें केंद्रीय कृशी मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी जाहीर केलां. पाटणांत जाल्ल्या मखाना महोत्सवांत उलयतना तांणी सांगलें, आफ्रिकन देशांकय निर्यात करपा खातीर कबलात जाल्या. मखाना हें फकत बिहाराचो अभिमान न्हय तर भारतीय परंपरेचें, मुल्यांचें, आनी शेतकारांच्या कश्टाचें प्रतीक . बिहाराच्या मखानाक आनी शेतकारांक संवसारीक मान्यताय मेळची हे खातीर कृशी मंत्रालय शक्य तितलो आदार दितलें अशी आश्वासन तांणी दिली.

-----------------------------------------

Election comm

मुखेल वेंचणूक आयुक्त ज्ञानेश कुमार हांच्या फुडारपणा खाला पुराय वेंचणूक आयोग आयज पाटणांत येणावळ कर खात्या, अंमलबजावणी संचालनालय, बँको, रेल्वे, विमानतळ, आनी मादक पदार्थ नियंत्रण ब्युरो ह्या सारक्या अधिकाऱ्यांची भेट घेतले . राज्यांत येवपी विधानसभा वेंचणुकेची तयारी पळोवपा खातीर वेंचणूक आयोगाचो पंगड दोन दिसांच्या बिहाराचा भोवंडेर आसा. तशेंच केंद्रीय आनी राज्य पुलीस दळांचे नोडल अधिकारी, पुलीस महासंचालक, मुखेल सचीव, आनी हेर वरिश्ठ अधिकाऱ्यां वांगडा वेंचणूक आयोग पंगडाची बसका जातली. काल वेंचणूक पंगडान पाटणांत मान्यताय मेळिल्ल्या 12 राजकी पक्षांच्या प्रतिनिधीं कडेन बसका

घेतली. हे बसकेंत वेगवेगळ्या पक्षांनी आयोगा मुखार जायत्या मुखेल प्रस्नांचेर आपले विचार मांडले.

-----------------------------------------

United Kingdom

युनायटेड किंगडमाचे प्रधानमंत्री केयर स्टारमर ह्या म्हयन्याच्या 8 तारखे सावन दोन दिसांच्या भारताचा भेटीर आसतले . प्रधानमंत्री स्टारमर हांची ही भारताची पयली अधिकृत भेट आसतली. विदेश वेव्हार मंत्रालयान 9 ऑक्टोबराक मुंबयंत सांगलें, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी ताचे ब्रिटनाचे समकक्ष भारत-ब्रिटन व्यापक रणनिती भागीदारी खाला व्हिजन 2035 नकाशा प्रमाण वेगवेगळ्या मळार प्रगतीचो नियाळ घेतले. वेपार आनी गुंतवणूक, तंत्रगिन्यान आनी नवनिर्माण, संरक्षण आनी सुरक्षा, हवामान आनी उर्जा, भलायकी, शिक्षण, आनी लोकां मदीं संबंद अशा मुखेल खांब्यांतल्यान कार्यावळी आनी उपक्रमांचो हो केंद्रीत आनी वेळापत्रक 10 वर्सांचो रस्तो नकासो आसा. तशेंच दोनूय देशां मदल्या फुडाराच्या अर्थीक भागीदारीचो केंद्रीय खांबो म्हूण काम करपी भारत-ब्रिटन व्यापक अर्थीक आनी वेपार करारान सादर केल्ल्यो संधी सोदून काडपा खातीर दोनूय फुडारी वेवसायीक आनी उद्देग फुडाऱ्यां कडेन संपर्क सादतले.

-----------------------------------------

UIDAI

भारतीय विशिष्ट ओळख प्राधिकरणान सात ते १५ वर्सां पिरायेच्या भुरग्यां खातीर आधार बायोमेट्रीक अपडेट शुल्क माफ केलां.इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी म्हायती तंत्रज्ञान मंत्रालयान सांगलां की ह्या पिरायेच्या गटा खातीर अनिवार्य बायोमेट्रीक अपडेट शुल्कत सूट 1 ऑक्टोबर सावन चालीक लायल्या आनी ती एक वर्सा खातीर लागू उरतली. ह्या निर्णयाचो देशभरांतल्या सुमार 6 कोटी भुरग्यांक फायदो जातलो असो अदमास आसा.

-----------------------------------------

IMD

भारतीय  हवामान खात्यान आयज उत्तर बिहार, उपहिमाल अस्तंत बंगाल आनी सिक्किमात  उटानगराचो  पावस पडपाचो अदमास उक्तायला . म्हणण्या प्रमाण आयज अरुणाचल प्रदेश, आसाम आनी मेघालया हंगा पावस पदपाचो आसा

-----------------------------------------

CRICKET

आयसीसी बायलांच्या वनडे क्रिकेट विश्व करंड सर्तींत आयज कोलंबोच्या आर प्रेमदासा स्टेडियमांत भारत आनी पाकिस्ताना आड सर्तीच्या दुसऱ्या काळांत खेळटलो. ही मॅच भारतीय वेळा प्रमाण 3 वरांचेर सुरू जावपाची आसा.

-----------------------------------------